## भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# छळ करप्या थावन प्रचारक


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.






सुर्वेक पवित्र सभेंत देवान आपल्या लोकां वरवीं व्हडलीशीं कामां केलीं. फिलीप नांवाचो एक मनीस गर्दीच्या शारांतल्या लोकांक जेजू विशीं सांगपाक व्यस्त आशिल्लो. पूण देवान ताका वाळवंटात धाडलो. किद्याक?


देवाक खबर आशिल्लें
वाळवंटात एक प्रवासी आसा,
तो इथिओपियाची राणी कॅन्डीस
हाच्या फुडारपणाखाल राज्यकर्तो
आसलो. तो घरा वतालो आनी तो
एक खाशेलें पुस्तक वाचतालो.
पुस्तक कितें आशिल्लें असो
अदमास काडूं येता?
3
फिलीपान
देवाची
आदन्या
पाळळी, तेन्ना
देवान ताका सरळ
देवाचें उतर समजनासतना
वाचपी राज्यकर्त्या कडेन
व्हेलो. ताणें फिलीपाक आपल्या
वांगडा येवपाक आपयलो.
4
“हाचो अर्थ कितें?” राज्यकर्त्यान
फिलीपाक विचारलें. वाळवंटी रस्त्यार
रथ थरथरताना, फिलीपान आपलें तोंड
उगडलें आनी त्या शास्त्रा थावन सुरू
करून ताका जेजूचो प्रचार केलो.
5
आफ्रिकन राज्यकर्त्याक
रोखडोच पवित्र पुस्तकांतलो संदेश,
जेजू क्रिस्त देवाचो पूत असो विस्वास
दवरलो. थोडें उदक पळोवन ताणें म्हणलें,
“म्हाका पवित्र स्नान घेवंक कितें आडखळ येता?”
6
मागीर फिलीपान म्हणलें, “तुमी सगळ्या काळजान विस्वास
दवरल्यार तुमकां शक्य आसा.” जेन्नां राज्यकर्त्यान जाप
दिली, “जेजू क्रिस्त देवाचो पूत” म्हाका विस्वास
आसा, तेन्ना फिलीपान ताका उदका
कडेन व्हरून पवित्र स्नान दिलो.
7
आतां ते उदकांतल्यान भायर सरले
तेन्नां, प्रभूच्या आत्म्यान फिलीपाक
व्हेलो, देखून आफ्रिकन राज्यकर्त्यान
ताका आनीक पळोवंक ना. तो
खोशी जावन इथिओपियाक
परतलो!
8


पूण कांय जाणांक क्रिस्तांव लोकांचो दुस्वास आशिल्लो.
फिलीपाचो एक इश्ट स्टीफन हाका जेजू विशीं उलोवंक
जायनासल्ल्या रागान भरिल्ल्या लोकांनी मारून उडयल्लो.
तार्सूसांतल्या सावलू नांवाच्या मनशान स्टीफनाक मारपाक
आदार केल्लो. सावलाक सगळ्या
क्रिस्तांव लोकांचो दुस्वास आशिल्लो.
9


क्रिस्तांवांक धमक्यो आनी खून
करपाची उस्वास घेवन सावल
मुखेल याजका कडेन गेलो आनी
ताका जेजू फाटल्यान वचपी
दादल्यांक वा बायलांक धरपाचो
अधिकार दिवपी पत्रां मेळ्ळीं.
10


तारसाचो बिचारो
सावल! देवाच्या
लोकांक दुख्ख दिताना
तो प्रत्यक्षांत स्वता
प्रभू जेजूक दुखयतालो
हें ताका खबर
नाशिल्लें. देवान
सावलाक आडावचो
पडलो. पूण कशें?
11


देवान सावलाक
“धरलो”! सावल
दमास्कस शाराच्या
वाटेर आसताना, देवान
सर्गा थावन एक व्हड
उजवाड घालो. सावल
जमनीर पडलो. मागीर
ताका एक आवाज
आयकलो.
12


“तुमी कोण प्रभु?” सावल रडलो. “हांव जेजू,
जाचो तुमी छळ करतात.” थरथरून आनी
विस्मित जावन सावलान विचारलें, “प्रभु,
तुका हांवे कितें केल्ले जाय?” आनी
सर्वेस्परान ताका म्हळें: उठून शारांत वच,
आनी तुका कितें करचें तें सांगतले.
13


सावला वांगडा
आशिल्ल्या मनशांकय
आवाज आयकलो,
पूण कोण दिसलो ना.
सावलू जमनी थावन
उठलो – आनी तो
कुड्डो जाल्लो!
तांणी ताका
दमास्कसांत
व्हेलो.
14


शारांत सावल तीन दीस
नदर नासतना रावलो आनी
खावंक ना पियेलो ना. घडये
ताणें तो वेळ दमास्कसाच्या
रस्त्यार मेळिल्ल्या प्रभू
जेजूक मागणें करुंक घालो.
15


देवान सगळें नियोजीत केल्लें.
दमास्कसांत अननिया नांवाचो एक
शिश्य आशिल्लो. सावलाक आदार
करुंक देवान ताका धाडलो.
अनानिया भियेलो. पूण ताणें
देवाची आदन्या पाळ्ळी.
जेन्ना ताणें सावलाचेर
हात घाले तेन्नां कुडुंपण
गेलें – आनी सावल
देवाच्या पवित्र
आत्म्यान भरलो.
16


सावलान पवित्र स्नान घेतलो.
मागीर तो जेवलो. आनी ताका
जेवण जेवलो म्हणटकच बळगें
मेळ्ळें. सावलाक बळगें जाय
आशिल्लें. ताका खूब म्हत्वाचें
काम आशिल्लें.
17


रोखडेंच सावलान सभाघरांनी
क्रिस्ताचो प्रचार केलो, तो देवाचो
पूत. तेन्ना आयकून घेवपी सगळे
अजापीत जाले आनी म्हणपाक
लागले, “क्रिस्तांवांक नाश करपी
होच न्हय?” आनी
कांय जाणांनी
सावलाक
मारपाची
कट रचली.
18


सावलाच्या नव्या
दुस्मानांनी शाराच्या
दारांचेर नदर दवरली,
सावलाक शार सोडून
वचपाचो यतन केल्यार
ताका मारपाक. पूण ताचे
नवे इश्ट क्रिस्तांवांनी ताका
रातच्या वेळार व्हरून
व्हडल्या टोपलेंत
वण्टीवयल्यान देंवयलो.
19


आनी तेन्ना सावन
क्रिस्तांवांक छळ करपी
सावल आपल्या नव्या
गुरूचो, प्रभू जेजू
क्रिस्ताचो एक विस्वासू
अनुयायी जावन जियेलो.
20

छळ करप्या थावन प्रचारक

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

प्रेषितांचीं कृत्यां ८-९

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

21

# शेवट

58

60

22

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

23